**शिक्षणीक पद्दतीचेर पुनर्विचाराची गरज -पिल्लई**

ता. 11 ऑगस्ट 2021

भारतीय शिक्षण पद्दतीचेर पुनर्विचार करपाची आनी विस्तारान विचारविनिमय करपाची गरज आसा, अशें गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी सांगलें.

राज्यपाल काल मीरामार पणजी हांगा वसंतराव धेंपो हिरक जयंती व्याख्यानमाळेच्या "खंय विचार केंद्राभिमूख जातात" व्याख्यानाचे उक्तावण केल्या उपरांत उलयताले. संस्थेक 60 वर्सां पुराय जाल्ल्याच्या निमतान धेंपे कला आनी विज्ञान महाविद्यालयान ह्या कार्यक्रमाचे आयोजन केल्ले. "भारतीय शिक्षणीक प्रणालीचो पुनर्विचार" अशी कार्यक्रमाची संकल्पना आशिल्ली.

राज्यपालान म्हणले, प्रत्येक मनशाच्या एकात्मिक विकासाखातीर शिक्षण हे मूलभूत गरज आसा. प्रत्येकान प्रतिशठीत जीण जगपाखातीर स्वभाविक कुशळटाय विकसीत करपाची लेगीत गरज आसा. स्वामी विवेकानंदांन सांगलां ते प्रमाण शिक्षण हे परिपूर्णतेचें प्रकटीकरण आसा. भारताक समृध्द परंपरा आसा आनी ती प्राचीन काळात नालंदा, विक्रमशीला, तक्षशीला ह्यासारख्या म्हान विद्यापीठांच्या अस्तित्वाक लागून स्पश्ट जाता. बरे शिक्षणतज्ज्ञ, वकील, दोतोर, शिक्षक, अभियंतें, राजकारणी तयार करपाखातीर शिक्षणाच्या बाबतीत व्यापक दृष्टिकोन आसपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगलें.

राज्यपालान फुडें म्हणले, देशाच्या संभाव्य संपत्तीचो विचार करून शिक्षण धोरण थारावपाक जाय, जे 18 आनी 35 वर्सां पिराय गटातल्या नवीन पिळगेतल्यान व्हड मनीसबळ तयार जावपाक फायदेशीर थारतले. नव्या पिळगेक प्रगत तंत्रज्ञानाचे शिक्षण उपलब्ध केल्यार देश प्रगतीशील आनी विकसीत जावपाक मदत जातली, अशेंय राज्यपालान म्हणलें.

धेंपे शिक्षण संस्थेचे अध्यक्ष श्री. श्रीनिवास धेंपे हांणी आपल्या उलोवपात म्हणले, संस्थेची स्थापना करपी ट्रस्टाच्या दूरदर्शी लोकांनी व्हड उद्दिश्ट मुखार दवरून संस्थेची स्थापना केल्ली, जाचेकडेन आमी दुर्लक्ष करपाक फावना. तांचे उद्दीश्ट पुर्ण करपाचो वावर आमी करपाक जाय, जेणे करून आमी सुशिक्षीत आनी आदर्श पिळगी निर्माण करपाक शकतले. पयली रोजगाराभिमुख शिक्षणाचेर लक्ष दिवप जायनासले. आताच्या सरकारांनी ताचेर भर दिल्लो आसा. गोंयकारांक दर्जेदार शिक्षण उपलब्ध करून दिवपाच्या उदात्त ध्येयान दूरदर्शी लोकांनी ह्या संस्थेची स्थापन केल्ली, अशें तांणी सांगलें.

सुरवेक  राज्यपालान महाविद्यालयाचे विद्यार्थी श्री. मंदार नाईक हांणी तयार केल्ल्या हिरक महोत्सवी वर्स लोगोचे अनावरण केले. राज्यपालांच्या हस्तुकीं तांचो सन्मान केलो.

गोंय विद्यापीठाचे कुलगुरू प्रो. वरूण साहनी, उच्च शिक्षण संचालक श्री. प्रसाद लोलयेकार, ट्रस्टी श्रीमती पल्लवी धेंपे, गोंय विद्यापीठाच्यो कुलसचीव श्रीमती राधिका नायक आनी हेरांची ह्या वेळार  उपस्थिती आशिल्ली.

धेंपे कला आनी विज्ञान महाविद्यालयाच्यो प्राचार्य वृंदा बोरकर हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. प्रशासक श्री राजेश भाटीकर हांणी निमाणे उपकार मानले.
म्हा /सप/ ऑप / विगां/ 2021/668

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji